18.02.2025 @ 8.40 am

आकाशवाणी पणजीच्या

कताराचे अमीर शेख तमीम बिन हमद अल थानी भारताच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यार नवी दिल्लीत पावल्यात. ह्या भेटी वेळार राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे कडेन ते चर्चा करतले

परीक्षा पे चर्चा 2025 चो नवो भाग आज प्रदर्शीत जातलो.

देवस्थानात हांगा international temple convention and expo कार्यावळीच्या उक्तावणाक मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाजीर आशिल्ले

काल चेन्नयच्या जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांत सुरू जाल्ली 23वी राष्ट्रीय पॅरा एथलेटिक्स सर्त 20 फेब्रुवारी मेरेन चालू उरतली.

**कतार 155**

कताराचे अमीर शेख तमीम बिन हमद अल थानी भारताच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यार नवी दिल्लीत पावल्यात. ताचे वांगडा मंत्री, वरिश्ठ अधिकारी, वेवसायीक प्रतिनिधी मंडळ आशिल्लें उच्च पांवड्याचें शिश्टमंडळ आशिल्लें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी शेख तमीम बिन हमद अल थानी हांकां विमानतळार येवकार दिलो. परराश्ट्र मंत्री एस जयशंकर हांणी नवी दिल्लींत अमीर शेख तमीम बिन हमद अल थानी हांचे कडेन द्विपक्षीय चर्चा केली. आज राष्ट्रपती भवनाच्या प्रांगणात शेख तमीम बिन हमद अल थानी हांक औपचारिक येवकार दितले. ह्या भेटी वेळार राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू अमीर हांचे कडेन चर्चा करतले, आनी तांच्या सन्मानार्थ मेजवानीचे आयोजन करतले. अमीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे कडेन चर्चा करतले, तातूंत द्विपक्षीय संबंदांच्या वेगवेगळ्या तासांचो आस्पाव जातलो. भारत आनी कतार हांच्यात इश्टागत, विस्वास आनी परस्पर आदरचे इतिहासीक संबंद आसात. हालींच्या वर्सांनी वेपार, गुंतवणूक, उर्जा, तंत्रगिन्यान, संस्कृताय, लोकां मदलो संबंध ह्या मळार दोनूय देशांचे संबंद घट जावपाक लागल्यात. कतारांत रावपी भारतीय समुदाय हो कतारांतलो सगळ्यांत व्हडलो प्रवासी समुदाय. कताराच्या अमीराच्या भेटेक लागून वाढत्या बहुपक्षीय भागीदारीक आनीक गती मेळटली.

**परीक्षा 65**

परीक्षा पे चर्चा 2025 चो नवो भाग आज प्रदर्शीत जातलो. ह्या एपिसोडांत शाळेंतल्या विद्यार्थ्यां खातीर परिक्षेचो ताण, चिंता, आनी दबावा खाला शांत रावपा विशीं वेगवेगळ्या बोर्ड आनी परिक्षांतले जायते टॉपर्स आपले विचार आनी टिप्स सांगतले. आपल्या सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्माचेर आगामी व्हिडियो शेअर करतना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणले कि, ह्या 'परीक्षा पे चर्चा' भागात हे परिक्षा झुजारी परिक्षेचो ताण आनी चिंतेचेर येसस्वीपणान मात करपाचे अणभव सांगतले.

**बसका 110**

शिम सुरक्षा दळ (बीएसएफ) आनी बॉर्डर गार्ड बांगलादेश (बीजीबी) हांचे मदली **55** वी महासंचालक पांवड्यावेली शिम समन्वय परिशद नवी दिल्लींत सुरू जाली. ह्या म्हयन्याच्या **20** तारखेक ही परिशद सोंपतली. बीएसएफ शिश्टमंडळाचें फुडारपण बीएसएफचे महासंचालक दलजीत सिंग चौधरी, जाल्यार

बीजीबी शिश्टमंडळाचें फुडारपण बीजीबीचे महासंचालक मेजर जनरल मोहम्मद अशरफुझमान सिद्दीकी करतात. परिशदे वेळार शिम राखण दळां मदीं बरो समन्वय करपा खातीर शिमे संबंदीत प्रस्नांचेर चर्चा जातली. बांगलादेशांतल्या हल्लेखोरांनी बीएसएफ कर्मचाऱ्यांचेर आनी भारतीय नागरिकांचेर केल्ले हल्ले आनी हल्ले रोखप, शिमे पलतडी गुन्यांव आडावपाचे मार्ग, सिंगल रो कुंपण बांदप, बांगलादेशांतल्या भारतीय बंडखोर गटां आड कारवाय करप आनी शिमेच्या मुळाव्या साधनसुविधां संबंदीत प्रस्नांचेरूय चर्चा जातली. निमाणी बीएसएफ-बीजीबी शिमे समन्वय परिशद फाटल्या वर्सा मार्चांत बांगलादेशांतल्या ढाका शारांत जाल्ली.

**NRDRM 60**

सरकारान दोन **NRDRM** भरती मोहिमांचे दावे सरकारान न्हयकार ल्यात**.** ग्रामीण उदरगत मंत्रालयान राष्ट्रीय ग्रामीण उदरगत आनी मनरिजवण मिशन **NRDRM** न आयोजीत केल्ल्या दोन भरती मोहिमांचे दावे फेटाळल्यात. **NRDRM** कार्यालय मंत्रालयाच्या अधिकारक्षेत्रांत काम करीना अशें मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. दोन बनावट **NRDRM** संकेतथळां **www.nrdrm.com** तशेंच **www.nrdrmvacancy.com** ह्या संकेतथळार फटीच्या नोकरीच्या जायराती घालतात. **NRDRM** न केल्या खंयचेय भरती उपक्रमांक फटीचे अशें मानपाचीय शिटकावणी मंत्रालयान दिल्या.

**चौहान 80**

ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान आयज मध्य प्रदेशांतल्या 26 राज्यांनी आनी तीन केंद्रशासित प्रदेशांतल्या 152 शारी थळाव्या संस्थांनी राष्ट्रीय भू-स्थानिक गिन्यानाचेर आदारिल्ल्या जमनीच्या सर्वेक्षणाचें उक्तावण करतले. जमनीच्या मालकीचें अचूक आनी विश्वासार्ह दस्तावेजीकरण सुनिश्चीत करपा खातीर शारी वाठारांनी जमनीच्यो नोंदी तयार करप आनी अद्ययावत करप हो ह्या कार्यावळीचो हेत आसा. हो उपक्रम नागरिकांक सक्षम करतलो, राहणीमान सुलभ करतलो, शार नियोजन वाडटले, जमनी संबंदीत वाद उणे जातले अशें मंत्रालयान सांगलां. मालमत्ता नोंदी, प्रशासना खातीर आयटी आदारीत प्रणाली पारदर्शकता, कार्यक्षमताय आनी शाश्वत उदरगतीक समर्थन दितली.

**PM-AASHA 120**

**2025-26** मेरेन **15** व्या वित्त आयोग एकात्मिक प्रधानमंत्री अन्नदाता आय संरक्षण अभियान – पीएम-आशा येवजण **15**व्या अर्थ आयोगाच्या चक्रांत चालू दवरपाक सरकारान मान्यताय दिल्या. ह्या निर्णया वरवीं सरकारान **2024-25** वर्साच्या खरेदी वर्सा खातीर दर आदार येवजणे खाला राज्यांतल्या तुर, उडीद आनी मसूर डाळींच्या खरेदी किंमत समर्थन योजनेंतर्गत उत्पादनाच्या शंबर टक्के समतुल्य विक्री करपाक परवानगी दिल्या. कडधान्यांचे देशांतर्गत उत्पादन वाडोवपाक आनी आयातीवेले अवलंबित्व कमी करपाक शेतकऱ्यांच्या योगदानात मदत जातली. केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी आंध्र प्रदेश, छत्तीसगढ़, गुजरात, हरियाणा, कर्नाटक, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र, तेलंगाना आनी उत्तर प्रदेशांत खरीप 2024-25 च्या वट्ट **2024-25** टन खरीफ हंगामा खातीर दर आदार येवजणे खाला तुर डाळीच्या खरेदीक मान्यताय दिल्या. ताचो फायदो **12** हजारां परस चड शेतकारांक जाला अशी म्हायती मंत्रालयान दिल्या.

.**Rashmi / PTI 145**

देव आनी धर्म शाबुत आसल्यारुच देश शाबुत उरतलो ताका लागुन एकी आसप गरजेचे , आनी सनातन धर्माची संस्कृताय, देवळा, आमची ही एकी घटमुट दवरुन आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला ते आंध्र प्रदेश तिरुपती देवस्थानात . हांगा international temple convention and expo कार्यावळीच्या उक्तावणा वेळार उलयताले ह्यावेळा .माचेर आंध्र प्रदेशाचे मुखेलमंत्री चंद्रबाबु नायडु, महाराश्ट्राचे मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस, स्नामी गोविंदगिरी म्हाराज तशेचं हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ही कार्यावळ तीन दिस चलतलीजाल्यार हांतुन . 58 देशातले 1581 धर्मिक संस्थाचे प्रतिनिदीनी वाटो घेतला ह्या कनवेन्शन आनी एक्स्पो दरम्यान .15 मार्गदर्शन सत्रात 111 धर्मिक विशयाचेर उलोवप करपी वक्त्यांनी वाटो घेतलागोंय सैमाक., गोमातेक, पुजता, गोंय फकत दर्यादेगेवेल्या पर्टनाखातीरुच न्ही जाल्यार धर्मिक पर्यटनाखातीर लेगीत फामाद आसा अशें ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हणला. इतले मजगती भलायीक मंत्री विश्वजीत राणे हांणी आयज तिरुपती देवस्थानात पुर्ण कुंभ महाद्वार दर्शन घेवपी पाच मानाच्या मनशांमदी मान मेळयलो . हयावेळार धर्मिक विधीवत विश्वजीत राणे हांणी पुजा करुन उपरांत ह्या एक्स्पोत वाटो घेतलो.

**KIIT 120**

ओडिशाच्या भुवनेश्वरांतल्या कलिंग इन्स्टिट्यूट ऑफ इंडस्ट्रियल टेक्नॉलॉजी KIIT विद्यापिठांत एका नेपाळी विद्यार्थिनीच्या आत्महत्ये उपरांत उद्भवलेल्या परिस्थितीवर उपाय म्हणून आपलें सरकार राजनैतिक मार्गांतल्यान सक्रीयपणान वावुरता अशें नेपाळाचे प्रधानमंत्री के.पी.शर्मा ओली हांणी म्हणला. फाटल्या आयतारा सांजवेळार एका नेपाळी विद्यार्थिनीच्या मरणा उपरांत विद्यापिठांतल्या घडामोडींची दखल घेवन ओली हांणी सांगलें की, नवी दिल्लींतल्या नेपाळी दूतावासान ओडिशांतल्या प्रभावित नेपाळी विद्यार्थ्यांक समुपदेशन करपा खातीर दोन अधिकारी धाडल्यात.

हे घडणुकेक लागून विद्यापिठाच्या परिसरांत तणाव निर्माण जाला आनी नेपाळी विद्यार्थ्यांनी निशेध उक्तायला आनी मरण आयिल्ल्याक न्याय मेळचो अशी मागणी केल्या. मजगती नेपाळी दूतावासान सांगला की ते भारत सरकार आणि ओडिशाच्या मुख्यमंत्री कार्यालया कडेन संपर्कांत आसा, आणि हे घडणुके संबंदी अधिकाऱ्यां कडेन समन्वय सादता. हे घडणुके उपरांत 500 परस चड नेपाळी विद्यार्थ्यांक विद्यापीठ कॅम्पस सोडचें पडलां अशें अहवालांत म्हणलां.

**पॅरा 125**

काल चेन्नयच्या जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांत सुरू जाल्ली 23वी राष्ट्रीय पॅरा एथलेटिक्स सर्त 20 फेब्रुवारी मेरेन चालू उरतली. ह्या सर्तींत भारत भरांतल्यान 1,476 पॅरा खेळगड्यांनी 30 पंगडां खाला 155 सर्तींनी वांटो घेतला आनी ताका लागून देशांतल्या सगळ्यांत व्हडल्या पॅरा-ॲथलीट्स मेळाव्यांपैकी एक जाल्या. भाग घेवपी कांय अव्वल खेळगडे म्हळ्यार भालो फेकात सुमित अंतिल, नवदीप सिंग,, व्हीलचेयर सर्तींत मनोज सबपथी, उंच उडीत मरियप्पन थांगवेलू, गोळाफेकित मनोज सिंघराज मुथु राजा, होकाटो सेमा, आनी डिस्कसांत योगेश कथुनिया हांचो आस्पाव आसा .

देवेंद्र झाझरिया हांच्या फुडारपणा खाला भारतीय पॅरालिंपिक समिती पी सी आय आनी चंद्रशेखर राजन हांच्या फुडारपणा खाला तमिळनाडू पॅरालिंपिक स्पोर्ट्स असोसिएशन (टी एन पी एस ए) न ही सर्त घडोवन हाडल्या. हे सर्तींत पॅरा खेळगड्यांची प्रतिभा आनी लवचीकपण अधोरेखित करता। आनी भारतीय खेळांत समावेशकता आनी उत्कृश्टताय वाडोवपाचो हेतू दवरता.

**बर्लिन 100**

बर्लिन चित्रपट महोत्सव २०२५ त  जागतिक ऑडिओ व्हिज्युअल आणि मनरिजवण शिखर परिषदेखातीर एक आउटरीच कार्यक्रम, वेव्हज २०२५ चे आयोजन केले. युरोपीय चित्रपट बाजारपेठेत वांटो घेवपी संवसारभरांतल्या मुखेल चित्रपट निर्मात्यां कडेन भारतीय शिष्टमंडळान संवाद साधलो. हे सत्रान भारतांतल्या पुर्विल्ल्या दायजाचो आनी आर्विल्ल्या तंत्रीक उदरगतीचो अद्‌वितीय मेळ दाखोवपा खातीर हें सत्र एक व्यासपीठ म्हूण काम केलें. बर्लिन चित्रपट महोत्सवातल्या चित्रपट उद्येगातल्या फुडारयांक वेव्हज २०२५ शिखर परिषदेत सहभागी जावपाक आमंत्रित केला. बर्लिनात उलयताना, ज्येष्ठ दिग्दर्शक आणि अभिनेते शेखर कपूर हांणी भारतीय मनरिजवण उद्येगाच्या अफाट क्षमतेर भर दिवपी प्रेरणादायी भाषण केलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचो दृष्टिकोन भारताच्या खाची कोनशातल्या निर्मात्यांक जागतिक व्यासपीठ प्रदान करून सक्षम करप आसा अशें तांणी सांगलें.

**प्रधान 100**

राष्ट्रीय शिक्षण धोरणांतल्यान दोन नवी खाशेलपणां जोडल्यात, जाका लागून नोकरी सोदप्यांकच न्हय तर नोकरी निर्माण करप्यांकय आकार मेळटलो अशें केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत दिल्ली विद्यापिठाच्या हिंदू महाविद्यालयाच्या 126व्या स्थापणूक दिसा संबोधीत करतना देशांतल्या तरणाट्यांक नोकरी सुरक्षीतताय, सभ्य जिवीत आनी अर्थीक सशक्तीकरणाची गरज आसा अशें मत मंत्री प्रधान हांणी उक्तायलें. देशभर संशोधनाक चालना दिवपा खातीर वेगळी बुन्याद घालतले हाचेर प्रधान हांणी भर दिलो., राष्ट्रीय संशोधन फावंडेशन तयार करपाची सरकाराची कल्पना आसा आनी भारतीय उद्देगा खातीर एक लाख कोटी रुपया व्याजमुक्त रीण मेळटा. विद्यार्थ्यांक हो निधी संशोधन आनी नवनिर्मीणा खातीर वापरच मंत्री प्रधान हांणी आवाहन केले.

आणि आता खबरो सोपोवचे आदी परतून एक फावट  काय मुखेल खबरो

आनी ईतल्यान हयो राष्ट्रीय  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबरा विभागाचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें सांजेच्या ६.३० मिनिटांचेर नमस्कार